## <u>अन्न आनी पिवपा उदक उत्पादकांखातीर प्रशिक्षण कार्यक्रम</u>

ता. 08 जून 2018
18 जेष्ठ 1940

अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्यान ता. 27 जून 2018 दिसा अन्न उत्पादन करपी उत्पादक आनी ता. 28 जून 2018 दिसा पिवपा उदक आनी उदक आधारीत पेयांचे उत्पादन करपी उत्पादकांखातीर परीशद सभाघर, अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालय, बांबोळी, पणजी हांगा प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे आयोजन केला. हो प्रशिक्षण कार्यक्रम मुंबयच्या मे. एन्विरोकॅअर लॅबस् हांच्या सहकार्यान आयोजित केला.

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी दर्जो प्राधिकरणाच्या नेमाप्रमाण अन्न उत्पादन करपी आस्थापनांनी प्रशिक्षित अन्न सुरक्षा अधिका-याची नेमणूक करपाची गरज आसा. तशेंच अशा अधिका-याची नेमणूक करप 1 जानेवारी 2019 सावन सक्ती आसतली.

प्रशिक्षण कार्यक्रमात सहभागी जावपाखातीर अन्न आनी पिवपा उदक उत्पादन करपी उत्पादकांनी संचालनालयाकडेन संपर्क करून नावनोंदणी करची.